**<u>मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं सावयवेऱ्या मुळाव्या शाळा इमारतीची पायाभरणी</u>**

ता. 11 फेब्रुवारी 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी फोंडे म्हालातल्या सावयवेऱ्या गांवांत सरकारी मुळाव्या शाळेच्या नवीन इमारत बांदकामाची कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. गोविंद गावडे हांच्या उपस्थितीत पायाभरणी केली. ह्या वेळार जिल्हा पंचायत वांगडी, सरपंच, पंच वांगडी, पालक, शाळेचे शिक्षक आनी विद्यार्थी हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयतना डॉ. सावंत हांणी साखळेचो सुर्ला गांव आनी सावयवेरेच्या वळवय गांवाक जोडपी पुल बांदपाचो सरकाराचो प्रस्ताव आशिल्ल्याचे सांगून दोन तालुक्यांक जोडपी हो पूल साकार करपा खातीर थळाव्या लोकांचे सहकार्य महत्वाचे आसा, अशें सांगले. दोनीय वटेनच्या लोकांमदी दुवो सादपी ह्या पुलाचे सपन लोकांच्या संमती बगर पुर्ण जावप शक्य ना, अशेंय तांणी म्हणले.

मुळावी शाळा ही भुरग्यांची योग्य जडण घडण जावपाची योग्य सुवात आसून सरकारी मुळाव्या शाळांतल्या साधनसुविधांचो आनी शिक्षणाचो दर्जो वाडोवपा खातीर सरकाराचे प्राधान्य आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/128

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA